**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं**

ता. 24 ऑक्टोबर 2020

गोंयचे राज्यपाल श्री.भगतसिंग कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक दसऱ्याच्या शुभप्रसंगार ह्नद्नीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दसरो म्हळ्यार विजयादशमीच्या उत्सवान णव दिसांच्या नवरात्रां उत्सवाची सांगता जाता. प्रत्येक प्रदेशांत ह्या उत्सवा बाबतीत वेगवेगळो धार्मिक भावार्थ आसलो तरी बऱ्या गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताची भावना तशीच उरता. हो उत्सव आमची राष्ट्रीय एकात्मता मजबूत करता आनी विविधतेत एकजूट ह्या संकल्पने विशींचो आमचो सदांकाळाचो भावार्थ वाडयता. आयज संवसार असहिष्णुताय, दुस्वास आनी हिंसात्मक वायट प्रवृत्तीन पिडीत जाल्लो आसतना आमी आमच्या सहिष्णूता, भावपण आनी शांतीकायेच्या मुल्यांकडेन कटीबद्ध जावया.

ह्या वर्सा दसऱ्याचो उत्सव प्रत्येक गोंयकाराच्या जीणेत शांतीकाय, खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/609

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA